**<u>राज्यपालाकडल्यान ईद ई मिलाद निमतान परबीं</u>**

ता. 27 सप्टेंबर 2023

गोंयचे राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी गोंयच्या लोकांक आनी खास करून मुस्लिम समाजाक ईद ई मिलाद सणाच्या शुभ प्रसंगार मनाकाळजासावन उर्बेभरीत परबीं भेटयल्या.

राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, ईद ई मिलाद वा मिलाद ऊन नबी हो सण महम्मद पैगम्बराच्या जल्म दिसा निमतान मनयतात. महम्मद पैगम्बरान संवसाराक दया, सादेपण आनी मानव सेवेचो संदेश दिलो. तांचो संदेश आमकां प्रत्येकाक सलोखो आनी बंधुत्वाच्या मार्गार चलपाक प्रेरीत करता.

ह्या उमेदीच्या प्रसंगार हांव लोकांक महम्मद पैगम्बराच्या आदर्श मुल्यांच्या शिकवणीचो प्रसार करपाक स्वता पुर्नसमर्पित जावपाचो आनी समाजाच्या भरभराटी खातीर आनी देशांत शांतीकाय आनी सलोखो वाडोवपा खातीर काम करपाचो उलो मारता.

ह्या वर्सा ईद ई मिलाद सण प्रत्येकाच्या जीणेत खुशालकाय, मोग आनी शांतीकाय घेवन येव, अशें राज्यपाल म्हणटा.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/749

--

------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.